# नॅट /सॅट परिक्षेखातीर इत्सूक उमेदवारांखातीर मार्गदर्शन सत्र

ता. 23 एप्रिल 2025

नॅशनल टेस्टिंग एजन्सीन आयोजीत केल्ली संगणक आदारीत नॅट- NET आनी सावित्रीबाई फुले पुणे विद्यापिठान आयोजीत केल्ली सॅट-SET परिक्षा दिवपाक इत्सूक आशिल्ल्या उमेदवारांखातीर उच्च शिक्षण संचालनालया वतीन मार्गदर्शन कार्यक्रम आयोजीत करपात येतलो.

नॅट/सॅट मार्गदर्शन सत्रांचो लाव घेवपाक इत्सूक आशिल्ल्या उमेदवारांनी https://forms.gle/99uyy6GTTvy4jwv96. चेर गुगल फॉर्मातल्यान आपली म्हायती भरून नोंदणी करची. गुगल फॉर्मातल्यान आपली पुराय म्हायती सुपूर्द करपाची निमणी तारीख 30 एप्रिल 2025 आसा.

सर्वसामान्य /ओबीसी उमेदवारांखातीर 1000/- रूपया, एससी/एसटी/पीएच उमेदवारांखातीर 500/- रूपया, विद्यार्थ्यां खातीर 250/- रूपया, एससी/एसटी/पीएच विद्यार्थ्यां खातीर 150/- रूपया नोंदणी शुल्क आसा, नोंदणी शुल्क रोख भरपाक जाय. कार्डा खातीर दोन फोटो दिवपाक जाय. जाल्यार ह्या पयली नोंदणी केल्ल्या आनी मार्गदर्शन सत्राक हजर राविल्ल्यांक गुगल फॉर्म भरपाची गरज ना. तांणी थेट मार्गदर्शन सत्राक हजर रावन आपले कार्ड नुतनीकरण करून घेवचे.

अर्ज, जातीचो दाखलो, विद्यार्थ्याचे वळखपत्र, नोंदणी शुल्क भरिल्ल्याची पावती आनी हेर म्हायती तपासल्या उपरांत 5 ते 9 मे 2025 मेरेन उच्च शिक्षण संचालनालय , सांख्यिकी विभाग, दुसरो माळो, एस7-ए एसीईआरटी इमारत, पर्वरी हांगा नोंदणी कार्ड जारी करतले. मार्गदर्शन सत्रां विशीं वेळापत्रक नोंदणी कार्ड जारी करपा वेळार दितले.

चड म्हायती खातीर प्रदिप ए. मराठे-मो. 9420687220 वा सारिका पाळणी-मो. 982352221 हांचे कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/392

---

Issued by

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.